# पेडणेची कोंकणी मोड: कांय निरिक्षणां

**प्रियदर्शिनी मु. तडकोडकार**

आमची कोंकणी भास विंगड विंगड लिपयांनी तशी विंगड विंगड मोडींनी म्हळ्यार बोलयांनीय पातळ्ळ्या. जाती, धर्म, थळ, वेवसाय हांचे प्रमाण कोंकणीच्यो मोडी तयार जाल्यात. देखून बारदेशी, अंत्रुजी, साश्टी, काणकोणची कोंकणी अश्यो वाटारां वेल्यान जाल्ल्यो मोडी, हिंदूंची, क्रिस्तांवांची, मोयरांची अश्यो धर्मां वेल्यान जाल्ल्यो मोडी; आनी सारस्वतांची, शेटींची, कुणब्यांची, गावड्यांची अश्यो जातीं वेल्यान जाल्यो मोडी गोंयांत चालंत आसात. पेडणें म्हाल आनी ताचे सरभोंवतणच्या वाटारांत जी कोंकणी उलयतात तिका पेडणेची बोली म्हणटात.

पेडणें हो गोंयच्या इकरा म्हालांतलो एक म्हाल. गोंयचे उत्तरे कडलो हो म्हाल. ताचे उदेंतेक आनी उत्तरेक महाराष्ट्राचो सावंतवाडी म्हाल जाल्यार दक्षिणेक गोंयचो बारदेस म्हाल आनी अस्तंतेक अरबी सागर आसा. ह्या म्हालाचो मुखेल गांव पेडणें. देखून ह्या वाटारांत उलयतात ते कोंकणीक पेडणेची वा 'पेडणी' मोड म्हणटात. मांद्रे, धारगळ, केरी, तोरसें, मोरजी, तुयें, न्हयबाग, पार्से अश्या आनी जायत्या भोंवतणच्या ल्हान व्हड गांवांनी हीच मोड उण्या अदीक वेगळेपणां सयत उलयतात. न्हंयबागेचे पलतडीं आशिल्ल्या कवठण, सातर्डा, बांदा, सावंतवाडी, कुडाळ, कणकवली ह्या वाटारांतय उण्या अदीक वेगळेपणान ही बोली थंयचे थळावे लोक उलयतात. काळाचे व्हांवतेंत हे बोलये भितर जायते बदल जाल्यात. हेर वाटारांतल्या जायत्या भासांचे प्रभावूय तिचेर पडल्यात. खूबश्या घराब्यांनी हिचो वापर हालींसराक बंदूय जाला आसूं येता.

भुरगेपणा सावन म्हज्या कानार पडिल्ले हे मोडीच्यो कांय विशेशतायो अभ्यासप्यां मुखार मांडपाची संद ह्या निबंदांतल्यान हांव घेतां. हे मोडीचो अशे तरेचो अभ्यास हाचे पयलीं कोणें केल्ल्याची विशेश नोंद म्हजे नदरेक येना. पूण ए.एम्. घाटगे ह्या विद्वान भाशाशास्त्रज्ञान १९६५ वर्सा महाराष्ट्र सरकाराच्या A Survey of Marathi Dialects ह्या प्रकल्पा वरवीं 'कुडाळी' मोडीचो भाशाशास्त्राचे नदरेंतल्यान अभ्यास केल्लो मेळटा. पूण तांची भुमिका पुराय वेगळी आशिल्ल्यान म्हजो निबंद ह्या संबंदांत पयलेपणाचो मान मेळयता. काळाचे व्हांवतेंत हे मोडी भितर जायते बदल जाल्यात आसतले. जायत्या हेर भासांचे जायते प्रभावय तिचेर पडल्यात आसतले. ह्या बदलां विशीं म्हजो तितलोसो खोलायेन अभ्यास नाशिल्ल्यान तांच्यो नोंदी ह्या निबंदांत जावंक पावंक नात.

"शालग्या/तुजां बाये बरां आ हा/ लगीन जावन / घोवा घरा गेलंय / रंगढंग सगळो केलय" वा "तडक आमच्या घरां / निरोप दी आजयेक / जपान थेयल्ल्यो काजी/ चुलीन उडोवंक / ना तर पणसाच्या घोटयांचा / सामारां करूंक / माळ्यार मुडयेंत नासणे आसतले / तेची बरी भाकर भाजूंक सांग / जायां जाल्यार भिंड्यालाचां / मुठलां मागान घे / येटास भूस मारून जा..." शशिकांत पुनाजीचे कवितेंतल्यान वा शामकांत का. मर्गज (बिम्ब. फेब्रु. २००९) हांचे "गांवावरसून वोवाळून टाकलेली तळेगांवची दोन भूशणा म्हंजे बाबलो आनी मारुती. काल दोग जाणंय बाजाराक गेल्लले. घश्यापर्यान येईस्तगत गांवठी सोरो मारल्यानी" 'लाकूडतोड्या डॉट कॉम' हे कथेंतल्यान, नयना आडारकाराल्या 'येसलां' ह्या 'बारदेस' २००८ च्या दिवाळी अंकातल्या व्यक्ति चित्रणांत आयिल्ल्या आपठलोवपाची घाटणी पेडणेचे मोडीचीच. तिची पत पळयात: "काय म्हटलां म्हाजा नांव काय? म्हाजा नांव येसलां. मियां हंय माज्या जिवनाची इस्टोरी सांगांक इलंय... मी असां तसां न्हय. बरां एशेशी पास जालंय... जेंवा म्हाका हेंची सोयरीक इली तेवां मी हेंका आनी माज्या सासयेक च्या व्हरान दिली, आनी बरो साश्टांग नमस्कार केलो. तर सासू तणतणत म्हणटाहा कशी "ही काय नमस्कार करुंची रीत जाली, करतयच जाल्यार बरो वाकान साश्टांग नमस्कार करूंक व्हयो."

"शांत्या गो शांत्या! खंय पावलां ह्या शांत्या!... बसकारानी ह्यो मिनी बशी घातल्यान. तेंतूंत धड पांय दवरूंक जागो नासता आनी दारार ही झुंबड. आमी सुमकारांनी उब्यां खंय रावाचां आनी आमचीं सुमां खंय दवरुचीं. आमकां काय फुकट व्हरतत ह्ये? बरे एके एके पोटलेचे पांच पांच रुपये घेतत...!' अशी लक्ष्मी नारोजीन उबी केल्ली सुमकान्नय ('बारदेस', दिवाळी, २००८) पेडणेचे मोडींतच उलयता. सुरवातीक शशिकांत पुनाजीच्या कवितांतल्यान दिश्टी पडपी ही मोड आतां कोंकणींत हेर लेखक लेखिकाय आपणावपाक लागल्यात. ही मोड आनी तांतूत येवपी उतरां थंयच्या लोकांच्या दिसपट्ट्या उलोवपांत आनी वेव्हारांत घोळटात.

शेतकामती आनी गवंडीकाम हो हांगासल्ल्या लोकांचो मुखेल वेवसाय. दर्यादिगे वेल्या लोकांचें पोट नुस्तेमारी आनी ते संदर्भांतले हेर वेवसाय हांचेर चलता जाल्यार कांय कडेन न्हंयेंतली रेंव आनी चिरे काडपाचे वेवसाय चलतात. गोंय मुक्त जातकच हांगासल्ले जायते जाण पोटापाणयाच्या निमतान गोंयांतल्या शारांनी कामा धंद्या निमतान आयले आनी थंयच थिरावले. तांणी गोंयांत उलयतात ती कोंकणी घरा भायल्या वेव्हारा खातीर आपणायली पूण घरांत मात ते पेडणेचीच मोड उलयतात. भायर एकामेकां कडेन उलोवपाकय ते प्रमाण कोंकणीच आपणायतात. हाचें कारण म्हाका दिसता, तांच्या मनांत हे मोडी विशीं आशिल्लो न्यूनगंड. लोक संस्कृतायेचें व्हड दायज हांगासल्ल्या समाजान राखून दवरलां. 'सोकारत' ही हांगासल्ल्या लोकवेदाची देण. चिल्लया बाळाची हीच काणी सामकार दवरून मराठींतल्या श्रीधर ह्या कवीन व्हड कवीत 'शिवलीलामृत' रचलें, जाचीं पारायणां गोंयांतलेय भावीक करतात. ताचेय आदलो संत नामदेव हांणी रचिल्ल्या गौळण काव्यांत कोंकणी हे मोडीचो वापर केल्ल्याचो संदर्भ मेळटा.

*"गौळणी ठकविल्या एक एक संगतीनें / मराठी कानडीया ।*
*एक मुसलमानी । कोंकणी गुजरणी ।।*
*अशा पांचीजणी । गौळणी ठकविल्या ।।धृ।।"*

तांतली कोंकणी गवळण काकुळटेक येवन कृष्णाक आपणाले लिपयल्ले कपडे परतून दिवपाक सांगतना म्हणटा –

*"पाव गा दातारा । तूं नंदाचो झिलो ।*
*माका फडको दी । मी हिंवान मेलो ।*
*घे माझो कोयतो । देवा पायां पडलों ।।*

अशी, दुसरे भाशेंतल्या कवींकय उर्बा दिवपी ही मोड. तिचे मदीं बरीचशी थळावी अशी निजाची शब्दसंपत आसा. क्रियापदां आसांत जीं कोंकणीचे प्रमाण बोलये परस आनी हेर मोडीं परस वेगळीं आसात. जाल्यार कांय उतरां प्रमाण वा अंत्रुजी मोडींतले सारकींच आसात, तांचो हेळो मात बदलिल्लो आसता. कांय वेळार ताका लागून विंगड विंगड भावछटाय उकत्यो जातात. अर्थ पुराय बदलता. हे मोडीचें वेगळेपण ताका लागून अधोरेखीत जाता, तशीच तिची सुंदरताय नदरेंत भरता. म्हज्या ह्या मत्ताक पुश्टी दिवपा खातीर हे

मोडींतल्यो कांय वेंचीक देखी हांव वाचप्यां मुखार दवरतां जाका लागून हे मोडीचें खेरीतपण वाचप्यांच्या लक्षांत येतलेंच. सांगाता हेर मोडीं परस ही मोड खंयचे बाबतींत आनी कशी वेगळी आसा हें कळपाक आदार जातलो.

**उतरावळींतलीं खाशेलपणां**

पेडणेचें मोडींत कांय अशीं खाशेलीं उतरां आसात जीं प्रमाण बोलयेंत मेळनात. देखी:

| प्रमाण बोली | पेडणी मोड |
|---|---|
| कूड | होंवरी |
| कोळी | मावली |
| तांतीं | कवठ |
| चलो | झील, झिलगो |
| उदक | पाणी |
| दुरीग | गडगो |
| सुणो | कुत्रो |
| वत | हुनात/निंबर |
| केन्ना | केवां |
| हांगा | हंय, हंयसर, हडे, हडेन |
| तेन्ना | तेंवा, तंवा |
| थंय | तडेन, थडेन |
| तातूंत | तेंतूर, तिंतूर |
| म्हणटा | म्हणटय, म्हुनलय |
| तें | तां |
| फाटल्यान | फाटसून |
| हें | ह्यां |
| पोरसांत | परड्यांत |
| पळय | बघ/बग |
| बरोवप | ल्हिवचां |
| करपाक जाय | करूंक होया |
| आयलें | आयलां, इलां |
| करता | करतय |
| व्हिस्तीद | आंगी, आंगलां |
| बसपाचें | बसांचां |
| खावपाक जाय | खावंक होया |
| कित्याक | खेका |
| खंय | खडेन |
| म्हूण | म्हणान, म्हुणान, म्हणून |

**सर्वनामां**

| | प्रमाण बोली | | पेडणी मोड | |
|---|---|---|---|---|
| | *एकवचन* | *भोववचन* | *एकवचन* | *भोवचन* |
| पयलो पुरूश | हांव | आमी | मीं/मियां | आमीं |
| दुसरो पुरूश | तूं | तुमी | तूं | तुमीं |
| तिसरो पुरूश | तो,तीं,तें | ते, त्यो, ती | तो,ती, तां, | ते, तीं, तीं |
| | हो, ही, हें | हे, ह्यो, हीं | हो, ही, ह्यां | हे, हीं हीं |

**सर्वनामाचीं तिसरे विभक्तीचीं रुपां**

| | | | |
|---|---|---|---|
| हांवें | आमी | मियां | आमी |
| तुवें | तुमी | तुयां | तुमी |
| ताणें, तिणें | तांणी | तेणें, तिणें | तेणीं, तिंच्यांनी |
| ताणें | | तेणें | तेंच्यांनी |

'हांव' ह्या सर्वनामाक पयल्या दोन पुरुशांत 'अँ' प्रत्यय लागता. आनी तिसऱ्या पुरुशांत 'णें' प्रत्यय लागता.

**सर्वनामाचीं चवथे विभक्तीचीं रुपां**

| | | | |
|---|---|---|---|
| म्हाका | आमकां | माका | आमकां |
| तुका | तुमकां | तुका | तुमकां |
| ताका/हाका | तांकां/हांकां | तेका/हेका | तेंकां/हेंका |
| तिका/हिका | तांकां/हांकां | तिका/हिका | तेंकां/हेंकां |

**स्वामित्वदर्शक सर्वनामांची / विशेशणाचीं रुपां**

| | | | |
|---|---|---|---|
| म्हजो | म्हजे | माजो | माझां |
| म्हजी | म्हजी | माजी | माजी |
| म्हजें | म्हजीं | माजां | माजीं |
| तुजो, तुजी | तुमचो, तुमची, | तुजां, तुजी | तुमचां, |
| तुजें | तुमचें | तुजां | तुमचीं, तुमचां |

जितलो, तितलो ही संबंधी सर्वनामां पेडणी मोडींत 'जितलो, तितको' अशीं मेळटात.

**नामाचीं रुपां**

मध्यवर्ती मोडींतली व्यंजनान आनी स्वरान सोंपपी नामां पेडणेचे मोडींत एकवचनांत आनी भोवचनांतय तशींच उरतात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| देखी: (पुल्लिंगी नामां) | हात | हात | |
| | | राजा | राजा |
| | | हती | हती |
| | | दोळो | दोळो |

स्त्रीलिंगी नामाच्या एकवचनी आनी भोवचनी रुपांनी बदल ना.

| | |
|---|---|
| बाग | बागो |
| शाळा | शाळा |
| चानी | चानयो |

अँन सोंपपी अलिंगी नामाचें भोववचन प्रमाण कोंकणींत अँ स्वरा बदला ई स्वर घालून जाता. पेडणेचे मोडींत तें आं स्वर घालून जाता.

| प्रमाण कोंकणी | | पेडणी मोड |
|---|---|---|
| तवशें | तवशीं | तवसां |
| आबोलें | आबोलीं | आबोलां |

हेर अलिंगी नामाचीं रुपां प्रमाण मोडींत आसात तशींच उरतात.

| | | |
|---|---|---|
| देखी: | झाड | झाडां |
| | मोतीं | मोतयां |

**प्रस्नार्थक उतरा**

हे मोडींतलीं प्रस्नार्थक उतरांय विशेशताय दाखयतात. हातूंतलीं कांय उतरां उच्चारणांत स्वरभेद दाखोवन वा वेगळ्या हेल्यान उच्चारतात. देखी:

| प्रमाण बोली | पेडणी मोड |
|---|---|
| कितें | काऽय |
| कोणाचो/कोणालो | कोऽणाचो |
| कोणाची/कोणाली | कोऽणाची |

| | |
|---|---|
| कोणाचें / कोणालें | कोणांचां |
| खंय | खंय/खडेन |
| खंयचो | खंयसल्लो |
| खंयच्यान | खंयसून/खडेनसून |
| कितलो | कितलो |
| कितल्यावो | कितक्यावो |
| कित्याक | खेका |

**संख्यावाचक उतरां**

संख्यावाचक उतरां घेतल्यार, एकाक लाब आनी इकराक अकरा अशे दोनूच बदल मेळटात. पूण संख्यावाचक आनी क्रमवाचक विशेशणां घेतल्यार फक्त अलिंगी विशेशणांत बदल आसा अशें दिसता. देखीक, पयलो, पयली, पयलें हातूंत पयलो, पयली तशेंच उरता आनी पयलें बदला 'पयलां' येता. तेच तरेन दुसरां, तिसरां, चवथां, पांचव्यां, सव्यां, सातव्यां, विसाव्यां, शंभराव्यां अशे बदल जातात.

**कांय शब्दयोगी अव्ययां**

हे मोडींतलीं कांय शब्दयोगी अव्ययां पळोवया —

| प्रमाण बोली | पेडणी मोड |
|---|---|
| वयर - वयलो - वयल्यान | वरती-वरचो-वरच्यान |
| सकयल-सकयलो-सकयल्यान | खाली-खालचो-खालच्यान |
| भितर-भितरलो-भितरल्यान | भितूर-भितुरलो-भितुरच्यान |
| पयस-पयसुल्लो-पयसुल्ल्यान | लांब-लांबचो-लांबच्यान |
| लागीं-लागचो-लागसल्ल्यान | लागीं-लागींचो-लागींच्यान |
| कुशीक-कुशीचो-कुशीकच्यान | कडेक-कडेचो-कडेकच्यान |

प्रमाण बोलयेंत 'ल्यान' कूस (हांगा आडवाद कुशीकच्यान ह्या अव्ययाचो) जाल्यार पेडणी मोडींत 'च्यान' कूस लागता.

पेडणी मोडींतली अविकारी विशेशणां प्रमाण मोडींतले सारकींच आसतात. पूण विकारी अलिंगी विशेशणां 'आं' स्वरान सोंपतात.

| देखी: | | |
|---|---|---|
| | मोटें | मोटां |
| | काळें | काळां |
| | गोरें | गोरां |
| | बरें | बरां |
| | निळें | निळां |

**क्रियापदाचीं रुपां**

| प्रमाण बोली | पेडणी मोड |
|---|---|
| तूं पळयता / न्हिदता/खाता | तूं बघतंय / न्हिजतंय/ खातय |
| तुवें पळयलें / तूं न्हिदलो/ तुवें खालें | तूं/तुयां बघलंय/निजलय/खाल्लय |
| तूं पळयतलो/न्हिदतलो/ खातलो | तूं बघतलय/निजतलय/खातलय. |

हांगां आ, अँ आनो ओ चे बदला तय, लंय अशीं रुपां जातात.

आतां कांय न्हयकारी रुपां पळोवया —

हांव करना चें मियां/मी करूंचो नाय वा करचो नाय अशें जाता; हांव पळयना चें मी/मियां बघचो/बघूंचो नाय; हांव खायना चें मी/मियां खावंचो/खावूंचो नाय अशें पुल्लिंगांत जाता. जाल्यार स्त्रीलिंगात मी बघूंचां नाय, खांवचां नाय, अशीं रुपां जातात.

आज्ञार्थाच्या रुपांनीय वेगळेपणां दिसतात —

| | |
|---|---|
| वच | जा |
| यो | ये |
| हाड | आण/हाड |
| पळय | बघ |
| ना | नाय/नको |

प्रमाण मोडींत खंयचीय क्रिया करपाची आसता तेन्ना त्या त्या क्रियापदाक 'पाक'कूस जोडटात. जाल्यार पेडणी मोडींत 'ऊंक' कूस लायतात. हांगाच काणकोणी मोडींत 'च्याक' कूसं लागता.

| देखी: | प्रमाण | पेडणी | काणकोणी |
|---|---|---|---|
| | रांदपाक | रांदूंक | रांदच्याक |
| | जेवपाक | जेवंक/जेवूंक | जेवच्याक |
| | हांसपाक | हांसूंक | हांसच्याक |
| | धरपाक | धरूंक | धरच्याक |
| | आमूडपाक | हामडूंक | हामडूंच्याक |
| | चिड्डुपाक | चिड्डूंक | चिड्डुच्याक |

**संबोधन**

हे मोडीची आनीक एक विशेशताय म्हळ्यार संबोधी विभक्तींत वा कोणाकय संबोधचें / आफोवपाचें आसल्यार दादल्याच्या नांवा पयलीं रे आनी बायलेच्या नांवा आदीं गो वा गे कूस लागता.

| देखी: | | |
|---|---|---|
| | रे बाळा | गो शाली |
| | रे दिलिपी | गे आई, गे आवशे/आवशी |
| | रे नाना | गे वयनी |
| | | गो सरू |

एकाद्र्या मनशा कडेन लागसारपण दाखोवपा खातीर हे मोडींत ताच्या नांवाचे बारा बिरेस्तार तेरा शुक्रार करतात. देखीक, रे बाळा चें रे बाळग्या जाता; रे नाना चें रे नान्या जाता; रे दिलीपा चें रे दिलप्या जाता; रे रमेशा चें रे रमम्या जाता; गो शाली चें गो शालग्या जाता; गो त्रिवेणीचें गो तिरविण्या अशें जाता. आनी काळाच्या घोग्यांत मूळ नांव खंयचें हाचोय केन्ना केन्ना विसर पडटा.

अशे तरेन हे मोडीच्यो जायत्यो विशेशतायो आनी खाशेलपणां आसात. तिचे शब्दसंपत्तीचो, म्हणी, वाक्प्रचारांचो, वाक्य रचनेचो अभ्यास करपाक खूब वाव आसा. हे मोडीच्या अभ्यासाची गोडी लागून आपखोशयेन तिचेर सोदवावर जावं येता. पुंडलीक नायक, शशिकांत पुनाजी, नयना आडारकार, लक्ष्मी नारोजी म्हामल, नारायण महाले सारके कांय बरोवपी हे मोडीच्या भाशाविश्कारा वरवीं कोंकणी साहित्य समृद्ध करतात. खंयचीय भास फळटली, तिगतली, वाडटली जाल्यार अशे तरेच्या विंगड विंगड मोडींतल्यान सृजनाविश्कार जावपाची गरज आसाच! कोंकणीच्या अशे तरेच्या आविश्कारान आनी तांचे संबंदान केल्ल्या अभ्यास, संशोधन आनी व्यासंगांतल्यान तिका खूब घटाय मेळटली हातूंत मातूय दुबाव ना.